QRickit
0224CH05



# 5 ओळीं कडेन खेळप



© NCERT not to be republished



## चल करया

A. उब्या आसनां ◯ वा उब्या वळीं भोंवतणी वर्तुळ करात.

B. आसनांक उब्यो ✓ आनी तिरप्या दोनूय रेखांशांनी कुरु करात.

C. ज्या ✗ आसनांक वक्र वा वांकडी रेखांशीं आसतात तीं हुंपचीं.

D. न्हिदिल्ली वा ★ आडव्या रेखांच्या आसनां वांगडा तांका एक नखेत्र दियात.

E. ह्या आसनांतली कांय आसन करून पळयात. आसन करतना तुमकां दिसपी ओळींचेर भासाभास करात.

भुरग्यांक योग मुद्राचो सराव करपाक सुविधा दिवप. फाट सरळ दवरात, हात सरळ दवरात, फाट वक्र वा वांकडी करात, हात-पांय तिरपून दवरात आदी सुचोवण्यो दिवच्यो. तशेंच पतंजलीच्या पुर्विल्ल्या योगसूत्रांत वर्णन केल्ल्या प्रमाण अष्टांग योगाविशींय सांगात.



## सरळ म्हणल्यार कितें?

हातांत धाग्याचो कुडको धरात.



हो सरळ आसा काय?

आता तुमचे हात लागीं हाडात.



आतां धागो सरळ आसा व्हय?





हें आतां उबें/न्हिदिल्लें/तिरपे आसा.



## चल करया.

**सकयल दिल्ल्या चित्रांत गळून पडपी वा शेणिल्ली उबी, आडवी, तिरपी आनी वक्र वा वांकडी रेखा सोदून काडात.**



not to © NCERT republished



## आतां टिपक्यांनी खेळया.

**A.** सरळ वळींचो वापर करून नवे आकार तयार करात. (उबे, आडवे आनी तिरकस वा तिरपें)





© NCERT not to be republished



**B. वांकड्या वळींचो वापर करून ढग, इंद्रधोणू आदी हांचे आकार काडात.**







© NCERT not to be republished



## आता करया

**A.** दिल्ल्या जाग्या भितर वेगवेगळ्या वळींचो वापर करून तुमचें स्वताचें चित्र काडात. खंयच्याय दोन तरांच्या वळींचो वापर करून चित्र काडात.

**B.** खंयच्याय तीन प्रकारच्या वळींचो वापर करून चित्र काडात.

© NCERT not to be republished

## C. सगळ्या प्रकारच्या वळींचो वापर करून चित्र काडात.



## प्रकल्प काम

**दोडपाचो खेळ**

जर आमी एकादो पेपर अर्द दोडलो, जाल्यार त्या पेपराच्या मदीं एक मध्यरेशा तयार जाता. जर आमी अशे तरेन पेपर दोडीत रावले जाल्यार आमकां जायत्यो रेशा मेळटल्यो. पेपर दोडल्या उपरांत मेळपी साबार रेशा आतां आमी पळोवया. सरळ आशिल्ल्या वळींक तांबडो रंग वापरात, जाल्यार तिरकस वा तिरपी आशिल्ल्या वळींक निळो रंग वापरात.

A. तुमच्या इश्टा बरबर पेपर दोडात आनी सगळ्यांच चड रेशा कोणाक फावो जातात तें पळयात.

B. पेपर दोडून आडव्यो वळी मेळटात जाल्यार पळयात.

वेगवेगळ्या कलाप्रकारां विशीं जशें मधुबनी, कलमकारी, वारली वा थंयच्या थळाव्या कला प्रकारांचेर संबंधीत चर्चा करात. शिक्षकान थंयच्या थळाव्या चित्रकारांक आपोवन तांका तांच्यो वेगवेगळ्यो वळी आनी आकार काडपाची प्रक्रिया भुरग्यांक सांगपाक लावपाक शकतात.



© NCERT not to be republished